# कदंब महामंडळ आनी पेट्रोलियम रिसर्च संघटनेमदी करार

ता. 29 जानेवारी 2018
6 माघ 1939

कदंब येरादारी महामंडळाच्या वाहनचालकांक प्रशिक्षण दिवपाखातीर हांलीच सचिवालयात मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांचे उपस्थितीत कदंब येरादारी महामंडळ आनी पेट्रोलियम जतन आनी संशोधन संघटनेमदी समजोता करार जालो. बसगाड्यो सुरक्षीत चलोवप आनी इंदनाची बचत करपाविशी वाहन चालकांक प्रशिक्षण दितले.

पेट्रोलियम जतन आनी संशोधन संघटनेचे कार्यकारी संचालक श्री. आलोक त्रिपाठी आनी कदंब येरादारी महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. डॅरिक परेरा नॅटो हांणी कराराचेर सयो केल्यो.

कदंब येरादारी महामंडळाचे अध्यक्ष श्री. कार्लुस आल्मेदा हेवूय ह्यावेळार हजर आशिल्ले.